गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 9 वर्स 2025**

**05/09/2025 दिसा प्रकाशीत**

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**सगळ्या पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 19-09-2025 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.gov.in वा गोंय सरकारचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाचे वॅबसायटीचेर उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**टीप:**1) अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

**ए) ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

**बी) ऑफलायन**

- ई- चलन निर्माण करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दीस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई-चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल नामो आनी मोबायल क्रमांक चुकयनासतना दिवंक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्त्याचेर/मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटलो. सगळ्या उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचे ईमेल/खातें/ मोबायल फोन/आयोगाची वॅबसायट नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टिप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तींत कसल्योय विसंगती दिसल्यार इंग्लीश आवृत्ती हीच प्रामाणीत अशें मानतलें.**

1.गोंय नागरी सेवेंत कनिश्ठ श्रेणी अधिकारी (Junior Scale Officer of Goa Civil Service) ..... 38 पदां (11 हेर मागास वर्गीयां खातीर, 5 अर्थीक नदरेन दुबळे आशिल्ल्यांक (ईडब्ल्यूएस), 6 अनुसुचीत जमाती खातीर, 16 अन- आरक्षीत) 38 पदांतलें 1 सीएफएफ खातीर आरक्षीत आनी 3 पदां दिव्यांग व्यक्ती खातीर आरक्षीत (आंदळेपण आनी उणी दृश्टी) आनी 2 पदां (सेलेब्रल पाल्सी, कुश्ठरोगांतल्यान बरे जाल्ल्यांक, गिड्डो, ऍसीड हल्ल्याचो बळी आनी मस्कूलर डिस्ट्रॉफी सयत लोकोमोटर दिव्यांगताय) खातीर आरक्षीत.

**वेतन श्रेणी**: सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें. **पिराय- 40 वर्सां परस चड आसूंक जायना.***

***पिराय:** अर्ज स्विकारपाच्या निमाण्या दिसा तो/ती 40 वर्सां परस उणे पिरायेचो/उणे पिरायेची आसूंक जाय:

सरकार वेळोवेळ खासा आदेशांतल्यान अधिसुचोवणी जारी करून सरकारी कर्मचारी वा हेर गटांतले व्यक्त चे पिरायेची ही कमाल मर्यादा सदळ करूंक शकता, पूण उमेदवाराची पिराय 50 वर्सां परस उणी आसूंक जाय.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:

**आवश्यक-** (i) शिक्षणीक पात्रताय: संसदेच्या कायद्यान वा भारताच्या खंयच्याय विधिमंडळान स्थापन केल्ल्या विद्यापिठाची वा संसदेच्या कायद्यान स्थापन केल्ल्या हेर शिक्षणीक संस्थांची वा विद्यापीठ अनुदान आयोग कायदो, 1956 (1956 चो केंद्रीय कायदो 3) हाच्या 3 कलमा खाला जाहीर केल्ल्या मानद विद्यापिठाची वा केंद्र सरकारान वेळोवेळ मान्यताय दिल्ल्या विदेशी विद्यापिठाची, ताचे/तिचे कडेन पदवी आसूंक जाय, वा परिक्षेक प्रवेश घेवपा खातीर राज्य/केंद्र सरकाराची मान्यताय प्राप्त पात्रताय आसूंक जाय. (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** – मराठीचें गिन्यान.

**टीपः** पीडब्ल्यूडी आनी सीएफएफ वर्गांतले उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, सामान्य श्रेणींतल्यान समान संख्येन पदां रिक्त दवरतले.

## गोंय नागरी सेवेंत कनिश्ठ श्रेणी अधिकारी पदां खातीर सुचोवण्यो:

### I. पूर्व- चांचणी परिक्षा

ह्या जाग्यां खातीर आयोगा कडेन व्हडा संख्येन अर्ज प्राप्त जातले अशें अपेक्षीत धरून, गोंय लोक सेवा आयोगान गोंय सरकाराच्या, **नागरी सेवेंत कनिश्ठ श्रेणी अधिकारी** पदां खातीरचे चांचणी परिक्षे पयलीं अतिरिक्त पूर्व- चांचणी परिक्षा आयोजीत करपाचें थारायलां. ही अतिरिक्त पूर्व – चांचणी परिक्षा सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आयोजीत करतले.

1. पूर्व चांचणी परिक्षा 75 मिण्टांची आसतली.
2. पात्र आशिल्ल्या सगळया उमेदवारांक ल्हान - ल्हान गटांत विभागून घालतले.
3. दरेकी गटाक एक वेगळी प्रस्न पत्रिका आसतली, पूण, दरेकी गटाचे प्रस्न पत्रिकेचो कठीण स्तर समान आसतलो.
4. ह्या पेपरांत वट्ट साठ प्रस्न भोवविकल्पी प्रकाराचे (एमसीक्यू) आसतले आनी जाप दिल्ल्या दरेकी प्रस्नाक योग्य जापे खातीर एक गूण आनी चुकीचे जापे खातीर शून्य गूण आसतले.
5. पूर्व – चांचणी परिक्षेंत सकयल दिल्ल्या गजालींचो आसपाव आसतलो.

### गोंय नागरी सेवेंत कनिश्ठ श्रेणी अधिकारी पदां खातीर पूर्व -चांचणी परिक्षेचो सविस्तर अभ्यासक्रम

1.सामान्य बुद्धिमत्ता, तर्क आनी संख्यात्मक योग्यताय:-

संख्या माळ, शाब्दीक वर्गीकरण, उपमा, जुळोवणी व्याख्या, शाब्दीक तर्क, विधान आनी अदमास, विधान आनी निश्कर्श, कारण आनी परिणाम हांचेर निर्णय दिवप, पत्र आनी प्रतीक माळ, गरजेचे भाग समस्या, कृत्रीम भास, निणर्य घेवप, युक्तिवादांचें विश्लेशण, कृतीचो अभ्यासक्रम, तार्कीक समस्या, विशय सोदून काडप, विधान आनी वाद, ऑडमॅन आवट आनी माळ, पिराय/ सिटींग समस्या, शब्द निर्मिती, वेन आकृती, वेवस्था/वंशवृक्ष, कोडींग डिकोडींग, वेळ/अंतराचेर समस्या आनी तत्सम विशय - 50 गूण

II. इंग्लीश आकलन - 10 गूण

टीपः

*पूर्व चांचणी परिक्षे खातीर कालावधी: 75 मिण्टां

*पूर्व चांचणी परिक्षे खातीर चडांत चड: 60 गूण

6. पूर्व चांचणी परिक्षा उत्तीर्ण जावंक उण्यांत उणे गूण सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसतले.
   अन- आरक्षीत/ अर्थीक नदरेन दुबळया वर्गा खातीर. ....... 65% (39/60)
   शारिरीक दिव्यांग/सीएफएफ/हेर मागास वर्गीयां खातीर ....60% (36/60)

अनुसुचीत जमाती /अनुसुचीत जाती खातीर ............. 55% (33/60)

7. ज्या उमेदवारांक हे पूर्व चांचणी परिक्षेंत काठाचेर गूण मेळळे आनी ताका लागून पात्रताय मेळूंक ना, अश्या उमेदवारां खातीर आयोगान पुनरावृत्ती पूर्व-चांचणी परिक्षा घेवन दुसरी संद दिवपाचो निणर्य घेतला.

## II. <u>पुनरावृत्ती पूर्व-चांचणी परिक्षा</u>

8. ही पुनरावृत्ती पूर्व-चांचणी परिक्षा पूर्व - चांचणी परिक्षा जाल्या उपरांत दोन सप्तकांच्या अवधी भितर जातली आनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें गूण मेळोवपी उमेदवारांक ह्या पुनरावृत्ती पूर्व- चांचणी परिक्षेक बसपाची परवानगी दितले.

अन-आरक्षीत / अर्थीक नदरेन दुबळया वर्गा खातीर वर्ग ........ 36 गूण वा 37 गूण वा 38 गूण
शारिरीक दिव्यांग /सीएफएफ हेर मागास वर्गीयां खातीर .... 33 गूण वा 34 गूण वा 35 गूण
अनुसुचीत जमाती /अनुसुचीत जाती खातीर .......... 30 गूण वा 31 गूण वा 32 गूण

9. उमेदवारांनी लक्षांत दवरूंक जाय की, ही पुनरावृत्ती पूर्व-चांचणी परिक्षा दिवपा खातीर अर्ज करपाची गरज ना कारण आयोग वयर दिल्ल्या प्रमाणें गूण मेळोवपी त्या सगळया उमेदवारांचो डेटा एकठांय करतलो आनी पुनरावृत्ती पूर्व-चांचणी परिक्षेची तारीख, वेळ आनी सुवात तांच्या नोंदणीकृत ई-मेल पत्तो आनी नोंदणीकृत मोबायल क्रमांकाचेर एसएमएसा वरवीं कळीत करतलो. पुनरावृत्ती पूर्व- चांचणी परिक्षे खातीर पयल्या पूर्व-चांचणी परिक्षे सारकोच अभ्यासक्रम आसतलो.

## <u>III.चांचणी परिक्षा</u>

10. पयल्याच येत्नांत आसूं वा परत दिल्ल्या येत्नांत आसूं, हे पूर्व-चांचणी परिक्षेंत पात्र थारपी उमेदवारांक उमेदवारांची लघू वळेरी करपा खातीर आवश्यक आशिल्ले चांचणी परिक्षेक प्रवेश दितले आनी चांचणी परिक्षेचो अभ्यासक्रम सकयल आसपाव केल्ल्या प्रमाणें आसतलो.

### <u>गोंय नागरी सेवेंत कनिश्ठ श्रेणी अधिकारी पदा खातीर संगणक आदारीत भरती परिक्षेचो (CBRT) अभ्यासक्रम</u>

I.भारताचो इतिहास आनी भारताची राष्ट्रीय चळवळ - 5 गूण

II.भारताचें राजकारण आनी शासन - संविधान, राजकीय प्रणाली, पंचायत राज, भौशीक धोरण, हक्काचे मुद्दे आनी हेर. – 10 गूण

III.पर्यावरणीय जीवसृश्टी, जैवविविधताय आनी हवामान बदल, हवा आनी उदक प्रदुशण आनी तांचो प्रभाव, वन संरक्षणाचेर सामान्य मुद्दे. - 5 गूण

IV.विज्ञान, तंत्रगिन्यान आनी नवनिर्माण, स्टाटर्अप, सीड फण्डिंग, उद्यम भांडवल, एंजल फण्डिंग, राष्ट्रीय नवनिर्माण मंडळाची मोख आनी उद्दिश्टां, राष्ट्रीय नवनिर्माणा कडेन संबंदीत आशिल्ल्यो वेगवेगळ्यो सरकारी प्राधिकारिणी, नवनिर्माणांत सरकाराचे उपक्रम. - 5 गूण

v. चालंत घडामोडी आनी राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय मळा वयल्यो म्हत्वाच्यो घडणुकी. – 10 गूण

vi भारत आनी वैश्वीक भुगोल – भौतीक, समाजीक, अर्थशास्त्र. भारत आनी वैश्वीक भुगोल. – 5 गूण

vii. सामान्य इंग्लीश, व्याकरणा सयत आकलन -10 गूण

viii. तार्कीक विचार आनी विश्लेशणात्मक क्षमताय - 25 गूण

टीप:

*सीबीआरटी खातीर कालावधी : 90 मिण्टां

* सीबीआरटी खातीर चडांच चड : 75 गूण

11. चांचणी परिक्षेंत उत्तीर्ण जावंक उण्यांत उणे गूण सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसतले.

| | |
|---|---|
| अन-आरक्षीत/अर्थीक नदरेन दुबळया वर्गांतले उमेदवार | - 65% |
| शारिरीक दिव्यांग /सीएफएफ/ हेर मागास वर्गांतले उमेदवार | - 60% |
| अनुसुचीत जमाती/ अनुसुचीत जाती वर्गांतलो उमेदवार | - 55% |

**चांचणी परिक्षेंत संबंदीत गटांत वयर दिल्ली उण्यांत उणी टक्केवारी मेळोवन उत्तीर्ण जावपी उमेदवारांक स्पर्धात्मक लेखी परिक्षा दिवंक आपयतले. चांचणी परिक्षेचो अभ्यासक्रम आयोगाचे वॅबसायटीचेर आदींच अपलोड केल्लो आसा.**

<u>IV. स्पर्धात्मक लिखीत परिक्षा</u>

12. चांचणी परिक्षेच्या निकालाच्या आदाराचेर आयोगान लघू वळेरी केल्ल्या उमेदवारांक स्पर्धात्मक लेखी परिक्षा दिवंक मेळटली, जी सकयल दिल्ल्या तपशिला प्रमाणें 250 गुणांची आसतली:

**भाग ए** - सामान्य बुध्दिमत्ता, तर्क आनी सांख्यिकी अभियोग्यताय 50 गूण – 60 मिण्टां

**भाग बी**- भारताचें संविधान, शासन आनी प्रशासन 75 गूण – 120 मिण्टां

भारताचें संविधान, शासन आनी प्रशासना संबंदीत प्रस्न आनी विशयांचेर उमेदवारांचें गिन्यान आनी योग्यताय चांचणी करपाचो ह्या घटकाचो हेतू आसा. संविधानाचेर विद्यार्थ्यांक भारतीय

लोकशायीचे कार्यावळी कडेन थेट संबंद आशिल्ल्या भारताच्या संविधानांतले मुखेल तरतुदींची आनी तशेंच संविधान सुदारणां/दुरुस्ती भोंवतणी जावपी वाद विवादांची वळख आसूंक जाय. शासन आनी प्रशासनाच्या संदर्भांत ताका नोकरशायेची भुमिका, केंद्रीय, राज्य आनी थळाव्या पांवड्या वयलीं शासन यंत्रणां (भारत आनी गोंय राज्याचो संदर्भ घेवन), बऱ्या प्रशासनाचीं मुळावीं तत्वां आनी समाज – नोकरशाय संवादांतले उद्भवपी प्रस्न हांची वळख आसूंक जाय. वेंचून काडिल्ल्या विशयांत अशे आसपावीत आसतलेः

- भारताचें संविधानः- प्रस्तावना, मुळावे हक्क, मुळावीं कर्तव्यां, राज्य धोरणाचीं निर्देशात्मक तत्वां
- भारताचें संविधान आनी केंद्र आनी राज्य विधिमंडळ, कार्यकारी आनी न्यायवेवस्था
- केंद्रीय राज्य संबंद, संघ, राज्य समवर्ती सुची, अर्थसंकल्पीय वांटप, वीत्तीय आनी राष्ट्रीय भारत परिवर्तन संस्थानाची (एनआयटीआय आयोग) भुमिका
- वेंचणूक आनी वेंचणूक प्रक्रिया, केंद्रीय आनी राज्य वेंचणूक आयोग, लोक प्रतिनिधित्व अधिनेम, 1950(1950 चो 43) आनी लोक प्रतिनिधित्व अधिनेम, 1951(1951चो 43).
- राष्ट्र निर्माणांत नोकरशायेची भुमिका, नागरी सेवा प्रशिक्षण, केंद्रीय नागरी सेवा नेम, प्रशासनांतली प्रामाणिकता, भौशीक खासगी भागिदारी
- सुशासनः कार्यक्षमता, पारदर्शकता, शासनांतली जापसालदारकी, माहिती हक्क अधिनेम 2005 (2005 चो 22), लोकायुक्त आनी लोकपाल हांची भुमिका.

**भाग सी-** सामान्य गिन्यान आनी चालंत घडामोडी **75 गूण - 120 मिण्टां**

भारत आनी गोंय राज्या संबंदीत इतिहासीक आनी समकालीन अशा दोनूय प्रकाराच्या सामान्य प्रस्नांचेर उमेदवाराची जागृताय आनी गिन्यानाची चांचणी करप हो ह्या घटकाचो उद्देश आसा. प्रस्नांचो उद्देश ह्या विशयाचेर प्रत्यक्षांत सखोल गिन्यानाची चांचणी करिनासताना अश्या मुद्यांचेर उमेदवाराचें तथ्यात्मक तशेंच विश्लेशणात्मक आकलन ह्या दोगांयचें परिक्षण करप आसा. तातूंत इतिहास, भुगोल, संस्कृती, शास्त्रीय विकास आनी चालंत घडामोडी आसूं येतात. वेंचून काडिल्ल्या विशयांत अशें आसपावीत आसतलें.

- राज्य, राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय मळा वयल्यो म्हत्वाच्यो घडणुकी.
- भारताचे स्वतंत्र्यतायेची चळवळ, गोंयची स्वतंत्र्यताय चळवळ
- भारत आनी गोंयचो भौतीक, अर्थीक आनी समाजीक भुगोल.
- धर्म, चालीरिती आनी उत्सवः भारत आनी गोंय
- माहिती आनी संचारण तंत्रगिन्यान, जैवविविधताय, पर्यावरण आनी हवामान बदल.
- समाजीक चळवळः भ्रश्टाचार, पर्यावरण, बायलांचे विशय.

**भाग डी** – इंग्लीश आकलन 50 गूण – 90 मिण्टां

13. स्पर्धात्मक लेखी परिक्षेचो अभ्यासक्रम तारीख 18.11.2021 दिसा शासकीय राजपत्र माळ I, क्र. 34 त प्रकाशीत केला आनी तो www.goaprintingpress.gov.in पळोवंक मेळटा. आयोगाचे वॅबसायटीचेर तो उपलब्ध आसा.

14. स्पर्धात्मक लेखी परिक्षे खातीर उण्यांत उणी उत्तीर्ण जावपाची टक्केवारी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसा.

- अन-आरक्षीत अर्थीक दुबळे वर्गां खातीर एकूण गुणांतले, 65 टक्के गूण मेळोवंक जाय,
- दिव्यांग व्यक्ती/ सीएफएफ/हेर मागास वर्गीयां खातीर एकूण गुणांतले, उण्यांत उणे 60 टक्के मेळोवंक जाय.
- अनुसुचीत जमाती/ अनुसुचीत जाती खातीर एकूण गुणांतले उण्यांत उणें 55 टक्के मेळोवंक जाय.

15. आरक्षण धोरणा संदर्भांत, फकत स्पर्धात्मक लेखी परिक्षेच्या गुणवत्तेचे आदाराचेर तोंडी मुलाखती खातीर आयोगान जायरात केल्ल्या रिक्त पदांचे संख्येचे पांच पटीन उमेदवारांक आपयतले. निमाण्या उमेदवारा इतलेच गूण मेळोवपी उमेदवार चड आसल्यार अश्या सगळ्या उमेदवारांक तोंडी मुलाखती खातीरूय आपयतले.

16.स्पर्धात्मक लेखी परिक्षे खातीर 250 आनी तोंडी मुलाखती खातीर 40 गूण थारायल्यात.

## <u>V. तोंडी मुलाखत</u>

17. तोंडी मुलाखती खातीर आपयल्ल्या सगळ्या उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या 18 प्रमाणें निमाणी निवड करपाक पात्र थारपा खातीर तोंडी मुलाखतींत उण्यांत उणे 50 टक्के गूण मेळोवंक जाय जे सकयल दिल्ल्या प्रमाणें उण्यांत उणे निमाण्या एकूण गुणा अधीन (स्पर्धात्मक लेखी परिक्षा आनी तोंडी परिक्षा) मेळोवंक जाय:

| | |
|---|---|
| **अन-आरक्षीत/ अर्थीक दुबळे वर्गांतले उमेदवार** | - 65% |
| **शारिरीक दिव्यांग/ सीएफएफ/ हेर मागास वर्गीय वर्गांतले उमेदवार** | - 60% |
| **अनुसुचीत जमाती /अनुसुचीत जाती खातीर** | - 55% |

* सकयल दिल्ली स्पश्टीकरणात्मक टीप पळोवची.

18. स्पर्धात्मक लेखी परिक्षा आनी तोंडी मुलाखतीचे गूण एकठांय करून गुणवत्तेच्या आदाराचेर उमेदवारांची निमाणी निवड जातली.

19. हॉल तिकेटी सयत वैयक्तीक कॉल पत्र परिक्षेचे तपशीलवार कळोवणी सयत उमेदवारांक ई-मेला वरवीं धाडटले. स्पर्धात्मक लेखी परिक्षा आनी चांचणी परिक्षेची तारीख थळाव्या दिसाळ्यांनी उजवाडायतले आनी ती आयोगाचे वॅबसायटीचेर अपलोड करतले.

20. उमेदवारांची निवड लागू आशिल्ल्या संबंदीत नेमांक धरून आसतली.

21. जरी ऑनलायन अर्ज सादर करपा संदर्भांत कसलीय अडचण आसल्यार, उमेदवारांनी 27.10.2023 चे पयली आयोगाच्या कार्यालयांत तंत्रिकी अधिकाऱ्या कडेन संपर्क करचो.

<u>स्पश्टीकरणात्मक टीप:</u>

देख 1. स्पर्धात्मक लेखी परिक्षेंत 167 गूण आनी तोंडी मुलाखतींत 24 गूण मेळोवपी उमेदवार (अन-आरक्षीत वर्गांत) गुणवत्ता वळेरेंत आसपावीत करूंक पात्र थारतलो, कारण ताचे निमाणे एकठांय केल्ले गूण, ते म्हणल्यार 167 +24 = 191 गूण जे निर्धारीत उण्यांत उणे 65 टक्क्यां परस चड आसात.

देख 2. स्पर्धात्मक लेखी परिक्षेंत 162.5 गूण आनी तोंडी मुलाखतींत 20 गूण मेळोवपी उमेदवार (अन-आरक्षीत वर्गांत) गुणवत्ता वळेरेंत आसपावीत करूंक पात्र थारचोना, कारण ताचे निमाणे एकठांय केल्ले गूण, ते म्हणल्यार 162.5 +20 = 182.5 गूण जातात जे निर्धारीत उण्यांत उणे 65 टक्क्यां परस उणे आसात.

देख 3. स्पर्धात्मक लेखी परिक्षेंत 189 गूण आनी तोंडी मुलाखतींत 19 गूण मेळोवपी उमेदवार (अन-आरक्षीत वर्गांत) गुणवत्ता वळेरेंत आसपावीत करूंक पात्र थारचोना, कारण तोंडी मुलाखतींत ताका 50 टक्क्यां परस उणें गूण मेळ्ळयात.)